# राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक गोंय घटक राज्य दिसानिमतान परबीं

ता. 29 मे 2024

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंय घटक राज्य दिसानिमतान गोंयच्या लोकांक परबीं दिल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, गोंय घटक राज्य दिसाच्या ह्या उमेदीच्या प्रसंगार  हांव गोंयच्या प्रत्येक नागरिकाक म्हजी काळजासावन उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयता, गोंय घटक राज्य दिसाची समस्त गोंयकारांक परबीं.

30 मे हो गोंयच्या राजकीय इतिहासातलो उगडासाचो दीस. 1987 वर्सा ह्याच दिसा गोंय भारतीय संघराज्याचे 25 वे राज्य जालें. 1961 वर्सा गोंय परकीय राजवटीतल्यान मुक्त जाले खरे , पुण गोंयाक वेगळो संघप्रदेश म्हण दवरप वा शेजारच्या कर्नाटक वा महाराष्ट्र राज्यात घालप हो मुखेल वाद निर्माण जालो.  ते खातीर 1967 वर्सा जनमत कौल घेतलो, जो स्वतंत्र भारतात पयलो आशिल्लो , जे वरवीं गोंय,दमण आनी दीव वाठारांक संघप्रदेश दर्जा सयत वेगळे दवरपाचो निर्णय जालो. ते उपरांत सगळ्यां मुखेल राजकीय पक्षांनी घटक राज्याची मागणी केली. आनी 30 मे 1987 दिसा गोंयाक घटक राज्याचो दर्जो मेळ्ळो. अशा तरेन गोंयच्या लोकांचे घटक राज्याचे सपन पुर्ण जाले.  घटक राज्याक लागून गोंयच्या लोकांक वेगळीं वळख मेळ्ळी आनी आपल्या भुयेंचो फुडार घडोवपाची संद मेळ्ळी.

ह्या उमेदीच्या प्रसंगार आमी आमच्या राज्याचो फुडार घडोवपा खातीर अविश्राम योगदान दिल्ल्या असंख्य गोंयकारांच्या  उगडासाक आर्गां ओपूया. गोंयचे लोक तांच्या  योगदानाचो सदाच उगडास दवरतले. घटक राज्याक लागून गोंयचो खाशेलो वारसो  फुडें व्हरपा खातीर नवी दिका मेळ्ळी. कोंकणीचो भरतीय घटनेच्या ८व्या परिशिश्टात आस्पाव जालो आनी राज्याची अस्मिताय आनीक मजबूत जाली. गोंयची वेगळी वळख राखपा खातीर योगदान दिल्ल्या समस्त फुडारी आनी गोंयच्या लोकांचे हांव अभिनंदन करता.

घटक राज्या उपरांत गोंय राज्यांन सगळ्या क्षेत्रांत तोखणाय करपा सारखी प्रगती केल्ली आसा.  काळांतरान गोंय हे उदरगतीचे राज्य जाला. गोंयान देशाच्या सामाजीक-आर्थिक उदरगतीत मोलीदीक योगदान दिला. गोंयच्या लोकांनी परिश्रम घेवन आव्हानांचे संदींनी रूपांतर केला आनी उदरगत आनी भरभराटीचे एक उत्कृश्ट उदाहरण निर्माण केला.

पर्यटन क्षेत्र हे गोंयच्या अर्थवेवस्थेचे एक मुखेल साधन आसा. गोंय हे संवसारात एक उत्कृश्ट पर्यटन स्थळ म्हूण फामाद आसा.  गोंयाक सैमीक सोबितकाय आनी सांस्कृतीक वारसो लाभिल्लो आसा. गोंयचे लोक ईश्टागतीन आनी शांतीकायेन रावपी. गोंयात वेगवेगळ्या समुदायातले लोक सलोख्यान आनी इश्टागतीन रावतात. ह्या परंपरेक लागून गोंय हे  पर्यटकांचे आकर्शण थारला.

गोंय राज्यान साधनसुविधांच्या मळार म्हत्वाचे प्रकल्प उबारल्यात. गोंयात रस्ते, रेल्वे, दोन विमानतळ आधुनिक तंत्रज्ञानाच्या शाश्वत साधनसुविधांच्या संकल्पनेचेर उबारल्यात . जुवारी न्हंयेवयलो आठ लेनीचो नवो  केबल स्टेड पूल हो आनीक एक म्हत्वाचो प्रकल्प जावन आसा.

FSSAI च्या अन्न सुरक्षा वळेरींत गोंयांक ल्हान राज्यांमदी सतत 5 वे फावट पयलो क्रमांक फावो जाला.

आयज गोंय राज्य सगळ्या मळार उत्कृश्ट उदरगत करपी राज्य जाल्ले आसा आनी आमचे हे सोबीत गोंय राज्य देशातले स्मार्ट राज्य जाल्ले आमकां रोखडेच पळेवक मेळटले.

गोंय हे एकमेव राज्य आसा ,जंय आयुषमान भारत डिजिटल मोहिमेखाला आधुनिक मुळावे भलायकी केंद्र कार्यरत आसा. ह्या केंद्रात दुयेंतींची नोंदणी ते वखदां दिवपाचे काम डिजिटल पद्दतीन जाता. ह्या केंद्राक उत्कश्ट वावराखातीर आयुषमान उत्कृश्टता पुरस्कार 2022 फावो जाल्लो आसा. भलायकीच्या मळार गोंयात जावपी वावराची राष्ट्रीय मळार तोखणाय जाता.

गोंयान पयलेच फावट 37 व्या राष्ट्रीय खेळा सर्तीचे यशस्वी आयोजन केले. गोंयान हे सर्तीत 9व्या क्रमाकासयत 27 भांगर, 27 रूपे आनी 38 काश्यां पदकां जीखली.

गोंयान G20 शिखर परिशदेच्या साबार बसकांचे यशस्वी आयोजन केले. ह्या बसकांनी साबार विशयांचेर भासाभास जाली.

हालीच गोंयांत लोकसभेची वेंचणूक शांतीकायेन आनी पारदर्शकपणान जाली. गोंयच्या लोकांनी लोकशाय प्रक्रियेत दाखयिल्ली उमेद आनी लोकशायेची तत्वां मजबूत करपा दाखयिल्लो विस्वास आनी सहभाग हे खातीर हांव तांचे अभिनंदन करता.

राजभवनान वामन वृक्ष कला उधान उपक्रमा वरवीं राजभवन वाठारांत बोन्साय जाताची 72 झाडां लायल्यात. शाळांच्या भुरग्यांमदी झाडांविशीं मोग निर्माण करपा खातीर ही बाग भुरग्यांक भेट दिवपाक उकती आसा. येणाऱ्या काळांत राजभवनाच्या बोन्साय बागेत 1000 झाडां लावपात येतली आनी ही एक व्हडली बोन्साय बाग आसतली.

गोंयात कावी कलेचो उत्कृश्ट वारसो आसा आनी ही कला गोंयची देवळां , चर्चीं आनी वारसा घरांनी पळोवक मेळटा. कावी कलेक प्रोत्साहन दिवपा खातीर राजभवनान कार्यशाळांचे आयोजन केले. कावी कलाकारांचो सत्कार केलो. ह्या कलेविशीं देशासयत संवसारांत लेगीत प्रसार करपाची गरज आसा.

राजभवनान गोंयचे पारंपारिक कलाकार, शेतकांर, रेंदेर, माडाचे गोड करपी, फुलकार, पाडेली, काथ्या काम करपी आनी हेर वेवसायिकांचो सत्कार केला. राजभवनान पारंपारिक कला आनी वेवसाय सांबाळून दवरपाखातीर उपक्रम चालू केल्यात.

ह्या उमेदीच्या प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक राज्याच्या उदरगती खातीर आनी राष्ट्रीय मळार योगदान दिवपा खातीर एकवटान कटीबद्द जावपाचो उलो मारता.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/244

-------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.